१०-१०-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

<u>मुखेल खबरो :</u>

- बिहारांत पयल्या पावंड्यावेल्या विधानसभा वेंचणुके खातीर 121 विधानसभा मतदारसंघांनी उमेदवारी प्रक्रिया आयजसावन सुरू जातली.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र हांणी काल मुंबयत तांचे ब्रिटीश सम पदेस्थ किर स्टारमर हांचेकडेन भासाभास करुन वेवसाय, सुरक्षा आनी संरक्षण ह्या विशयांचेर भारत-ब्रिटन संबंध घटमूट करपाचेर भर दिलो.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी इतिहासिक गाझा शांतीकाय उपक्रमाच्या यसाविशी इस्रायलचे प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतान्याहू आनी अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांका येवकार दिलो.
- गोंयात 12 ऑक्टोबर मेरेन जावपी आंतरराष्ट्रीय Purple festival चे उक्तावण काल मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले. ह्या महोत्सवात 45 देशातल्या सुमार 12 हजार प्रतीनीधीनी वाटो घेतला.
- भारत आनी वेस्ट इंडिज पंगडामदलो कस लावपी क्रिकेट खेळामाळेतलो दुसरो आनी निमणो कस लावपी क्रिकेट खेळ आयज सावन नवी दिल्लीतल्या अरुण जेटली स्टेडियमात जातलो.

## <u>BIHAR NOMINATIONS</u>

बिहारांत पयल्या पावंड्यावेल्या विधानसभा वेंचणुके खातीर 121 विधानसभा मतदारसंघांनी उमेदवारी प्रक्रिया आयज सुरू जातली. नामांकन प्रक्रिया सकाळीं 11 ते सांजे 3 मेरेन जातली. उमेदवारी केंद्रां भोंवतणीं खर सुरक्षा वेवस्था करपा खातीर वेंचणूक आयोगान खासा सुचोवण्यो जारी केल्यात. नामांकन परिसरांत भितर वा भोंवतणी गर्दी करपाक मेळची ना. फकत तीन वाहनां आनी प्रस्तावक सयत चडांत चड पांच जाणांक उमेदवारा वांगडा वचपाक मेळटलें. पुराय नामांकन प्रक्रियेचो व्हिडियो काडटले. पयल्या पावंडयार 6 नोव्हेंबराक पाटणा, दरभंगा, मधेपुरा, सहरसा, मुजफ्फरपूर, गोपाळगंज, सिवान, सारण, वैशाली, समस्तीपूर, बेगूसराय, लखीसराय, मुंगेर, शेखपुरा, नालंदा, बक्सर, भोजपूर वाठारानी मतदान जातलें. उमेदवारांक

ह्या म्हयन्याचे 17 मेरेन नामांकन पत्र दाखल करपाक मेळटलें. दुसऱ्या दिसा नामांकन कागदपत्रांची चवकशी जातली, आनी उमेदवारी फाटीं घेवपाची निमाणी तारीक 20 ऑक्टोबर आसतली. राज्यांतली विधानसभा वेंचणूक दोन टप्प्यांनी जातली - दुसऱ्या पावंड्याखातीर मतदान 11 नोव्हेंबराक जातलें, जाल्यार मतमेजणी 14 नोव्हेंबराक जातली.

<u>प्रधानमंत्री</u>

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी इतिहासिक गाझा शांतीकाय उपक्रमाच्या यसाविशी इस्रायलचे प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतान्याहू आनी अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांका येवकार दिलो. काल राती नेतान्याहू हांणी फोनावरवी जाल्ल्या चर्चेत प्रधानमंत्री मोदींनी हे उपक्रमाअंतर्गत जाल्ल्या प्रगतीची तोखणाय केली. प्रधानमंत्री मोदींनी बंदकांक सोडपाच्या आनी गाझाच्या लोकांक मजत दिवपाच्या कबलातीक खासा येवकार दिलो. सोशल मीडिया पोस्टावरवी प्रधानमंत्री नेतान्याहू हांचेकडेन जाल्ल्या संभाषणाची माहिती दिताना, प्रधानमंत्री मोदींनी आतंकवाद आड भारताची ठाम भूमिका परतून एकदा स्पष्ट केली.संवसारात खंयच्याय सुवातेर वा स्वरूपातल्या आतंकवादाक थारो ना अशें तांणी म्हळे.
दुसऱ्या पोस्टमध्ये, प्रधानमंत्री मोदीं हांणी राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांचेकडेन फोनावरवी जाल्ल्या संभाषणाची माहिती दिली. इतिहासिक गाझा शांतीकाय उपक्रमाच्या यसाविशी प्रधानमंत्र्यांनी राश्ट्राध्यक्ष. ट्रम्प हांका परबी भेटयली. दोनूंय फुडा-यांनी भारत आनी अमेरिका हांचेमदी सुरू आशिल्ल्या वेपार चर्चेतल्या सकारात्मक प्रगतीचोय नियाळ घेतलो.

<u>संजय कुमार हंसदा</u>

रिझर्व्ह बँकेने संजय कुमार हंसदा हांची नवे कार्यकारी संचालक म्हूण नियुक्ती केल्या. एका प्रसिद्धीपत्रकाप्रमाण, हंसदा आर्थिक आनी धोरण संशोधन विभागाचो कार्यभार सांबाळतले.
तांणी हे आदी आर्थिक आनी धोरण संशोधन विभागात संचालक, चलनविषयक धोरण विभागात सल्लागार आनी अंतर्गत कर्ज वेवस्थापन विभागात संचालक म्हणून काम केला.

## Purple festival

कालसावन -12 ऑक्टोबर मेरेन  चलपी आंतरराष्ट्रीय Purple  festival चे उक्तावण काल मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले. ह्या महोत्सवात 45 देशातल्या सुमार 12 हजार प्रतीनीधीनी वाटो घेतला. ह्या महोत्सवात केंद्रीय समाजीक दिव्यांग आनी सशक्तीकरण मंत्री विरेंद्र कुमार, राज्यमंत्री रामदास आठवले, एकवटीत राश्ट्रांचे भारताचे अध्यक्ष  shambi shark, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, गोंय दिव्यांग आनी सशक्तीकरण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय,आयुक्त गुरूप्रसाद पावसकार तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. गोंयात आयोजीत जावपी purple  fest ची प्रेरणा हेर राज्यानी लेगीत घेतला. दीव्यांग व्यक्तींच्या सक्षमीकरणाच्या नदरेतल्यान ह्या आंतरराष्ट्रीय purple festivalआक खुप महत्व आसा अशे ह्यावेळार केंद्रीय समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री डॉ. विरेंद्र कुमार हांणी म्हणला. purple  festival देश तशेंच विदेश पांवड्यावेले दीव्यांग मळार काम करपी तज्ञानी वाटो घेतला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले.

आंतरराष्ट्रीय Purple  festival 2025 च्या पयल्या दिसा भारत सरकाराच्या समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयाच्या दिव्यांगजन सशक्तीकरण आयुक्ताच्या फुडारपणाखाला देशभरांतल्या वेगवेगळया राज्यांतल्या दिव्यांगजन आयुक्तांची बसका घडोवन हाडली. राष्ट्रीय पांवड्यार समन्वय घटमूट करप, कायदेशीर चौकटी सुनिश्चीत करप आनी दिव्यांगजनाच्या हक्क कायद्याचीं तत्वां घटमूट करप ह्या हेतान देशभरांतल्यान दिव्यांग व्यक्तींचे राज्य आयुक्त एकठांय आयले. ‘सहकार शासन आनी हक्क आदारीत प्रणाली वरवीं समावेशाची चौकटी घटमूट करप’ अंदूंच्या बसकेचो विशय आशिल्लो.

## ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

## हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम, नागालँड, मणिपूर, मेघालय, मिझोरम आनी त्रिपुरात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच आयज आंध्र प्रदेश, दर्यादिगेवेल्या कर्नाटक, केरळ, माहे, ओडिशा, दक्षिण आंतराळ कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात व्हड पावस पडपाचो अदमास आसा. तशेंच फुडले दोन दीस अस्तंत बंगाल, लक्षद्वीप, तेलंगणात जगला मारपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

## टेस्ट मॅच - ५०

भारत आनी वेस्ट इंडिज पंगडामदलो कस लावपी क्रिकेट खेळामाळेतलो दुसरो आनी निमणो कस लावपी क्रिकेट खेळ आयज सावन नवी दिल्लीतल्या अरुण जेटली स्टेडियमात जातलो. हो खेळ सकाळी ९:३० वरांचेर सुरू जातलो .

अहमदाबादेत जाल्ल्या पयल्या कस लावपी खेळात जैत मेळयल्या उपरांत भारत ह्याय खेळात जैत जोडून ह्या खेळामाळेत वेस्ट इंडिजचो क्लीन स्वीप करपाचो यत्न करतलो.